# 1 फेब्रुवारीक विश्व ओलीत क्षेत्र दीस

ता. 23 जानेवारी 2020

गोंय राज्य ओलीत क्षेत्र प्राधिकरणावतीन ता. 1 फेब्रुवारी 2020 दिसा "विश्व ओलीत क्षेत्र दीस" मनोवपात येतलो. दोनापावला हांगाच्या राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेच्या डॉ. एस. झेड. कासिम सभाघरात सकाळीं 9.30 ते सांजवेळा 4.30 वरांमेरेन जावपी कार्यक्रमाची संकल्पना "ओलीत क्षेत्र आनी जैवविविधताय" अशीं आसा.

पर्यावरणमंत्री आनी गोंय राज्य ओलीत क्षेत्र प्राधिकरणाचे अध्यक्ष श्री. निलेश काब्राल कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आसतले जाल्यार पर्यावरण संचालक आनी गोंय राज्य ओलीत क्षेत्र प्राधिकरणाचे वांगडी सचिव श्री. जॉन्सन फर्नांडिस आनी राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेचे संचालक डॉ. सुनिल कुमार सिंग मानाचे सोयरे आसतले.

मुंबयचे नामनेचे लिमनोलॉजिस्ट डॉ. प्रमोद सालसकर हे तांणी पवईतल्या तळ्याचेर केल्ल्या अभ्यासाचेर विचार मांडटले.

त्याचवांगडा प्राधिकरणान "ओलीत क्षेत्र आनी जैवविविधताय" विशयाचेर तीन गटांत निबंध सर्त आयोजीत केल्या. 10 ते 15 वर्सां गट- 250 शब्द, 16 ते 24 वर्सां गट- 500 शब्द आनी 25 वर्सां वयल्या गटातल्या सर्तकांनी 1500 शब्दांनी निबंध बरोवपाक जाय. निबंध इग्लिश, कोंकणी, मराठी वा हिंदी भाशेतल्यान पीडीएफ आकारातल्या – goawetland@gmail.com. ह्या ईमेल आयडीचेर धाडचे.

तशेंच विशेंश भुरग्यांखातीर "ओलीत क्षेत्र आनी जैवविविधताय" विशयाचेर पोस्टर तयार करपाची सर्त आयोजीत केल्या. प्राधिकरणान "ओलीत क्षेत्र आनी जैवविविधताय" विशयाचेर फोटोग्राफी सर्तय आयोजीत केल्या आनी ह्या सर्तीखातीर ता. 1 जानेवारी 2019 ते 26 जानेवारी 2020 मजगती फकत गोंय राज्यांत फोटो काडिल्लो आसपाक जाय.

सगळ्यां सर्तींच्यो प्रवेशीका ता. 27 जानेवारी 2020 मेरेन गोंय राज्य ओलीत क्षेत्र प्राधिकरणाच्या कार्यालयात पावपाक जाय. सर्तींचो निकाल ता. 1 फेब्रुवारी 2020 दिसा "विश्व ओलीत क्षेत्र दीस" कार्यक्रमात जाहिर करतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/61

-